आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

राष्ट्रीय खबरो

Date: 02/06/2025 6.30 PM

संवसारीक हवाई येरादारी उद्देगांत भारताच्या विमान क्षेत्राची मुखेल भुमिका आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लीत भारत मंडपमात चालू आशील्या आंतरराष्ट्रीय हवाय येरादारी संघटनेच्या ८१ व्या वर्सुकी सर्वसाधारण सभेत उलोवप केले . संवसारीक एरोस्पेस कार्यावळींणी भारत एक मुखेल शक्त म्हणून उदेता अशें प्रधानमंत्रीनी सांगलें. संवसारीक विमान क्षेत्रांत भारत एक मुखेल बाजारपेठ जावपा वांगडाच धोरण फुडारपण, नवनिर्माण आनी समावेशक वाड हांचें प्रतीक अशें तांणी मुखार सांगलें.

नितळ उर्जा, पाचवी हायड्रोजन आनी जैव इंधन क्षेत्रांत भारत आनी पॅराग्वाय हांणी आपले संबंद आनीक घटमूट करपाचें थारायलां. आयज नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी पॅराग्वचे राष्ट्रध्यक्ष सँटियागो पेना पलासिओस हांचेमंदी जल्या प्रतिनिधी पावंडयावेली उलोवणीवेळार हो निर्णय घेतला . डिजिटल तंत्रगिन्यान, शेती, संरक्षण, रेल्वे, अंतरिक्ष आनी हेर क्षेत्रांत दोनूय देशांनी खूब संदी आसात. तशेच आतंकवादाच्याआड भारत आनी पॅराग्व एकवटीत आसात अशें तांणी सांगलें. ताचे आदी पॅराग्वचे राष्ट्रध्यक्ष सँटियागो पेना पॅलासिओस आयज सकाळीं तीन दिसांच्या भारत भोंवडेर नवी दिल्ली पावले. पॅलासिओस आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचेमंदी जाल्या उलोवणींत भारताचे पॅराग्व आनी दक्षिण अमेरिका वाठारा कडेन संपर्कचे नवे मार्ग उक्ते जातले असो विस्वास डॉ जयशंकर हांणी उक्तायलो. उपरांत पॅराग्वचे राष्ट्रध्यक्ष राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हांचीय भेट घेतले .

केंद्र सरकारान देशांत इलेक्ट्रीक प्रवासी गाडयो तयार करपाक चालना दिवपा खातीरच्या येवजणेची मार्गदर्शक तत्वां अधिसुचीत केल्यात अशी म्हायती उद्देग मंत्री एच.डी. कुमारस्वामी हाणी  आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक दिली. मुखेल आंतरराष्ट्रीय कार ब्रँडांक आकर्शीत करपा खातीर भारत उण्यांत उणो 35 हजार डॉलर मोलाच्या इलेक्ट्रीक गाडयांचेर 15 टक्के उणो आयात कर आसा अशें ताणी सांगलें. देशांत इलेक्ट्रीक गाडयत गुंतवणूक करपाक आनी तयार करपाक कंपनींनी मान्यताय दिल्या उपरांत हो लाव मेळटा अशें तांणी मुखर सांगलें. मान्यताय मेळिल्ल्या अर्जदारांक येवजणेच्या तरतुदी प्रमाण उण्यांत उणी 4 हजार 150 कोटी रुपयांची गुंतवणूक करची पडटली अशें कुमारस्वामी हांणी सांगलें.

विकसीत भारताचें ध्येय साध्य करपा खातीर विकसीत शेती आनी समृध्द शेतकार आसप गरजेचें आसा अशें केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी स्पश्ट केलें.शेतकारांच्या जिणेचो दर्जो सुदारपा हेतान आयज बिहारांत जाल्या कार्यावळीत ते उलयताले. देशभरांतले 16 हजार शास्त्रज्ञ शेतकारांवांगडा  थेट संवाद सादून उत्पादन वाडोवप, उत्पादन खर्च उणो करप, शेतकी उत्पादनांचे दर सुनिश्चीत करपाचेर काम करतात अशें कृशी मंत्र्यानी  सांगलें. सरकार दाळ आनी तेलबयांचे  लागवडिक  उरबा दिता आनी शेतवडीक चड फायदेशीर करपाचो सरकाराचो हेत आसा अशें तांणी स्पश्ट केलें.

तेलंगना आयज आपलो  स्थापणूक दीस मनयता.हे निमतान राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड  आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तेलंगणाच्या लोकांक परबी दिल्यात

भारतांच्या कोळसो उत्पादन आनी निर्गतित ह्या  वर्सा स्थिर वाड जाल्या, अशे कोळसो मंत्रालयान एका निवेदनांत सांगलां . मे 2025 वर्सा देशांतलें एकंदर कोळसो  उत्पादन 86.24 मेट्रीक टन (एमटी) मेरेन पावलें .मजगतीं, 31 मे 2025 मेरेन कोळसो कंपनीं कडेन आशिल्ल्या कोळशाच्या सांठ्यांत 29.18 टक्क्यांनी वाड जावन ति  १२२.६९ मेट्रिक टन जाल्या जि फाटल्या वर्साच्या काळांत 94.98 मेट्रीक टन इतली वाड जाली,

रशिया आनी युक्रेन हांच्या प्रतिनिधी मंडळां मदीं शांतताय उलोवपाची दुसरी फेरी आयज इस्तांबुलांत सुरू जातली. रशियेचें फुडारपण राष्ट्रपतीचो सहाय्यक व्लादिमीर मेडिन्स्की आनी

उपविदेश मंत्री मिखायल गॅलुझिन हांणी केलां. युक्रेनाचें फुडारपण संरक्षण मंत्री रुस्तम उमारोव करता.

देशभरांत तीन हजार णवशें साठा  परस चड सक्रीय दुयेंती आसातअशी म्हयती  भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालया न दिल्या . मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण सगळ्यांत चड 1हजार 435 दुयेंती केरळांत जाल्यार महाराष्ट्रांत 506 आनी दिल्लींत 483 सक्रीय दुयेंती आसात.

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या पांच दिसांत ईशान्य भारतात घोग्यानी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. वायव्य भारतांत आयतारा मेरेन जम्मू, काश्मीर, लद्दाख, गिलगीत, बाल्टीस्तान, मुजफ्फराबाद, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, पंजाब, हरियाणा चंडीगढ आनी दिल्लीत गडगड, वारें आनी वीज पडपासयत  पावस पडपाची शक्यताय आसा.तशेच केरळ, माहे आनी दर्यादेगेवेल्या कर्नाटकांत बिरेस्तारा मेरेन अशेच हवामान आसतले अशे हवामान खात्यान सांगला .

ऑस्ट्रेलियेचो ऑलराउंडर खेलगडो  ग्लेन मॅक्सवेल हाणे  आयज एक दिसाच्या आंतरराष्ट्रीय क्रिकेटांतल्यान निवृत्तीची घोषणा केल्या.

IPL T20 क्रिकेट सर्तीत अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्मैदानात फाल्या जावपी निमाणे खेळात पंजाब किंग्स रॉयल challengers बंगळुरू पंगडा आड खेळटलो. हो खेळ फाल्या सांजे 7:30 वरांचेर सुरू जातलो.